12 January 2025 सकाळी - 8.40

## आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा

### मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींतल्या, भारत मंडपमात जावपी 'विकसित भारत युवा फुडारी संवाद' कार्यावळीत वांटो घेतले.
- भारतीय जनता पक्षान दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर, 29 उमेदवारांची, दुसरी वळेरी जाहीर केल्या.
- शिवसेना उद्धव ठाकरें गटान महाराष्ट्रात नगरपालिकांसयत, थळाव्या संस्थांची वेंचणुक स्वतंत्रपणान लढपाचो निर्णय घेतला.
- मुळावी साधनसुविधा, उत्पादकता, कायद्यांत सुदारणा, आनी समावेशक उदरगतींत केल्ली गुंतवणूक, हि 2047 मेरेन भारताचो फुडार घडोवपाक म्हत्वाची थारतली, अशे केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगला.
- इंग्लंडा आड जावपी पांच मॅचींच्या, टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळामाळेखातीर, भारतान 15 वांगड्यांच्या, पंगडाची घोषणा केली.

-------------------------------

### पीएम युवा दिस

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान, नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात जावपी 'विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2025' हे कार्यावळीत वांटो घेतले. तशेंच देशाच्या भविष्यातल्या फुडाऱ्यांक प्रेरणा दिवपाक, प्रेरीत करपाक आनी सशक्त करपाक, तयार केल्ल्या जायत्या कार्यावळींनी प्रधानमंत्री वांटो घेतलो. 'विकसित भारत चॅलेंजीवरवीं', वेंचून काडिल्ल्या देशभरांतल्या तीन हजार, तरणाट्या फुडाऱ्यांकडेन ते संवाद सादतले. तरणाटे फुडारी ह्या कार्यावळी वेळार विकसित भारता खातीर, आपल्या दृश्टीकोनाचे सादरीकरण दाखयतले.

तशेंच तांका प्रधानमंत्री मोदी हांका तांचे विचार, अणभव आनी आकांक्षा थेट सांगपाची, संद मेळटली.

मजगती, काल प्रधानमंत्र्यानी विकसित भारत तरणाटे फुडारी संवाद, हो देशाच्या तरणाट्यांक राष्ट्राच्या उदरगतीच्या प्रवासांत वांटो घेवपाचो, एक आगळोच उपक्रम, हाचेर भर दिलो. विकसित भारताची मोख साध्य करपाखातीर तरणाट्या मनांची उर्जा, सृजनशीलता आनी फुडारपणाक, मार्गदर्शन करपाचो हे कार्यावळींत यत्न केला, अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

-------------------------------

घरमंत्री ड्रग्स

फाटल्या धा वर्सांत घुंवळीं वखदां जप्तींत, सात पटींनी वाड जाल्या, अशें केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला घुंवळीं वखदां आडच्या झुजाक नवे बळगें मेळ्ळां, अशें तांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत घुंवळीं वखदां आनी राष्ट्रीय सुरक्षा हे विशींचे, प्रादेशिक परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळतना मंत्री शाहा हाणी सांगलें, की फाटल्या धा वर्सांत 56 हजार 800 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या घुंवळ्या वखदांची, विल्हेवाट लायल्या. देशभरांतल्या घुंवळीं वखदां नियंत्रण ब्युरो आनी पुलिसांनी घुंवळीं वखदांचेर कारवाय केल्या, ताका लागून तरणाटे आनी समाज ड्रग्स मुक्त फुडारा कडेन वता, अशेंय मंत्री शाहा हाणी सांगलें.

-------------------------------

अश्विनी वैष्णव

मुळावी साधनसुविधा, उत्पादकता, कायद्यांत सुदारणा, आनी समावेशक उदरगतींत केल्ली गुंतवणूक, हि 2047 मेरेन भारताचो फुडार घडोवपाक म्हत्वाची थारतली,

हांचेर केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भर दिला. काल गोखले Institute of Economics हांगा जाल्ल्या, पुणे भौशीक धोरण महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यांत ते उलयताले. आपल्या संबोधना वेळार, मंत्री वैष्णव हांणी पॉवरपॉइंट सादरीकरणा वरवीं प्रेक्षकां कडेन संपर्क सादलो आनी विकसीत भारताच्या चार खांब्यांचेर लक्ष केंद्रीत केलें. तशेंच केंद्र सरकारान दूरसंचार क्षेत्रांत केल्ल्या उदरगतीचेर तांणी भर दिलो.

--------------------------------

पीयूष गोयल

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्‌देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी काल मुंबयच्या मलाड वेस्टांतल्या, मिठ चौकी हांगा, टी आकाराच्या फ्लायओव्हराच्या, दक्षिण भुजाचें उक्तावण केलें. ह्या संदर्भात उलयतना मंत्री गोयल हांणी, मलाडांतल्या आनी लागसारच्या वाठारांतल्या लोकांक, येरादारी सोंपें करपाक फ्लायओव्हराचें म्हत्व सांगलें. हजारांनी प्रवाशांच्या येरादारीची गर्दी उणी जातली आनी जोडणी वाडटली. लोक कल्याणा खातीर सरकाराच्या वचनबद्‌धतेचें हे प्रतीक आसा, अशें तांणी ह्या प्रकल्पाविषयी उलयतना सांगले.

--------------------------------

बीजेपी दिल्ली

दिल्ली विधानसभा वेंचणुके खातीर भाजपान 29 उमेदवारांची, दुसरी वळेरी जाहीर केल्या. आदले आमदार कपिल मिश्रा करवाल नगरांतल्यान, हरीश खुराणा मोती नगरांतल्यान, आनी हालींच आम आदमी पार्टींतल्यान भाजपांत आयिल्ली प्रियंका गौतम, कोंडलींतल्यान वेंचणूक लढयतली. हाचे आदीं पक्षान 29 उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केल्ली.

--------------------------------

## दिल्ली सोरो घोटाळ्या

कॅग अहवाला प्रमाण, दिल्लीतल्या सोरो घोटाळ्याक लागून, दोन हजार कोटी रुपयां परस चड येणावळीचे लुकसाण जाला, असो दावो भाजपान केला. काल पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत, खबरकारांक संबोधीत करतना, पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी अनुराग ठाकुर हांणी आम आदमी पक्षाचे निमंत्रक, अरविंद केजरीवाल हे सोरो घोटाळ्याचे किंगपिन आसात, असो आरोप केला. दुसरे वटेन आम आदमी पक्षाची फुडारी प्रियंका कक्कड हांणी, भाजपाच्या आरोपाचे खंडन करून, लीक जाल्लो कॅग अहवाल फटीचो आसा, असो दावो केला. ह्या घोटाळ्यांत, केजरीवाल हांचे आड कसलोच पुरावो मेळूंक ना, अशें तिणें सांगलें.

-------------------------------

## शिवसेना

मुंबय, ठाणे, पुणे, नागपूर ह्या नगरपालिकांसयत, थळाव्या संस्थांचे वेंचणुकेंत पक्ष स्वतंत्रपणान लढो दितलो, अशें शिवसेना (Uddhav Thackeray)चे खासदार संजय राऊत हांणी जाहीर केलां. मुंबयत पत्रकारां कडेन उलयतना राऊत हांणी सांगले, कि पक्षान आपले बळगें वाडोवपाची गरज आसा, आनी पक्षाचे मुखेली उद्धव ठाकरे हांणी ह्या वाठारांनी, वेगवेगळे लढो दिवपाची सुचोवणी केल्या.

-------------------------------

## ह्यूमन मेटान्युमोव्हायरस

हालींच खाजगी हॉस्पिटलांत दाखल जाल्ल्या, भुरग्याची ह्यूमन मेटा-न्युमो-व्हायरस, HMPV चाचणी पॉझिटिव्ह मेळ्ळ्या, अशें पुडुचेरी भलायकी खात्यान सांगलां. केंद्रशासित प्रदेशाच्या भलायकी खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण, हो भुरगो पुरायपणान बरो जाला आनी ताका डिस्चार्ज दिला.

--------------------------------

क्रिकेट

बायलांच्या क्रिकेटांत आयज, राजकोटांतल्या सौराष्ट्र क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमाचेर, तीन एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय खेळामाळेचे दुसरे मॅचींत, भारत आनी आयर्लंड आड जातलो. सकाळीं 11 वरांचेर, ही मॅच सुरू जावपाची आसा. पयल्या एका दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान, ६ विकेटींनी जैत मेळोवन, खेळामाळेत 1 आड शून्य अशी आघाडी मेळयली. पंगडांन 239 धांवड्यांचे लक्ष्य येसस्वीपणान साध्य करीत, फक्त 34 पूज्य 3 ओव्हरींनी, 241 धांवड्यो केल्यो.

--------------------------------

MEN'S HOCKEY इंडिया लीग

दादल्यांच्या हॉकी इंडिया लीगांत काल रातीं रौरकेला हांगाच्या, बिरसा मुंडा हॉकी स्टेडियमांत युपी रुद्रा संघान, दिल्ली एसजी पायपर्साक 3 आड 1 अशे हरायले. फ्लोरीस वॅरतल-बोअर, केन रसेल आनी टँग्युय कोसिन्स हांच्या गोलांनी यूपी रुद्राक, तीन गूण मेळोवन गूण तक्त्यात, दुसऱ्या क्रमांकार येवपाक मजत केली. दुसरे मॅचींत हैदराबाद तुफ़ान्सान, काल पेनल्टी शूटआउटांत सूरमा हॉकी क्लबाचेर मात केली.

आयज वेदांता कलिंगा लॅन्सर्स आनी हैदराबाद तूफान्स हांचे आड, रौरकेला हांगा खेळ जातलो. मॅच सांजे 6:00 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. 5 मॅचींनी 7 गूण मेळोवन, कलिंगा लांसर पांचव्या क्रमांकाचेर आसा. हैदराबाद तूफान्स लेगीत 7 गूण मेळोवन, सव्या क्रमांकार आसा.

--------------------------------

टेनिस ऑस्ट्रेलिया

टेनिसांत आयज सकाळीं, मेलबर्नांत जावपी प्रतिश्ठीत ऑस्ट्रेलियन ओपन 2025 सर्तीच्या, दादल्यांच्या एकोड्या सर्तींत, भारताचो सुमित नागल, झेकियाचो टॉमस माचाक हांचे आड खेळटलो. भारतीय वेळा प्रमाण सकाळीं 7 जावन 50 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. सुमित नागल हाका धरून, ऋत्विक चौधरी बोलीपल्ली, रोहन बोपन्ना, युकी भांबरी, आनी श्रीराम बालाजी हे खेळगडे भारताचें प्रतिनिधित्व करतले. ऋत्विक बोलिपल्ली ग्रॅण्ड स्लॅमांत पदार्पण करतलो जाल्यार, बोपन्ना परतून मेलबर्नात दादल्यांच्या दोट्टी खेळात, आपलो खिताब राखतलो.

-------------------------------

बीसीसीआय टी२०

इंग्लंडा आड जावपी पांच मॅचींच्या, टी-20 आंतरराष्ट्रीय खेळामाळेखातीर भारतांतल्या, क्रिकेट नियंत्रण मंडळान 15 वांगड्यांचो पंगड जाहीर केल्या. ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखेक कोलकाता शारांत ही खेळामाळ सुरू जातली. पंगडाचें फुडारपण सूर्यकुमार यादव करतले आनी उपकर्णधार म्हणून अक्षर पटेलाची नेमणूक केल्या. मोहम्मद शमी एक वर्सा परस चड काळा उपरांत, भारतीय क्रिकेट पंगडांत परतून आयला. 15 वांगड्याच्या पंगडांतले हेर खेळगडे म्हळ्यार संजू सॅमसन, अभिषेक शर्मा, तिलक वर्मा, हार्दिक पांड्या, रिंकू सिंग, नीतीश कुमार रेड्डी, हर्षित राणा, आर्षदीप सिंग, वरुण चक्रवर्ती, रवी बिश्नोई, वॉशिंग्टन सुंदर, आनी ध्रुव जुरेल हांचो आस्पाव आसा.

-------------------------------